Ganesh 200

स्ट्रीट लायट उबारपाक आनी दुरुस्ती करपा खातीर दरेका मतदारसंघांत वीज खात्याक एक स्काय लिफ्ट गाडी दितले अशी घोशणा मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी केल्या. बुधवारा मंत्रालयांतल्या वीज खात्या वतीन 38 स्काय लिफ्ट आनी 12 क्रेनींचे उक्तावण जाले. ह्या वेळार वीज मंत्री सुदीन ढवळीकार, आमदार जीत आरोलकार, मुखेल वीज अभियंती स्टीफन फर्नांडीस आनी हेर अधिकारी हाजीर आशिल्ले.

सरकारान ह्या गाड्यां खातीर एक पसून पयसो खर्च करूंक नात. गाडयांची पांच वर्सा खातीर देखरेख आनी दुरुस्ती कंत्राटदार करतले. कंत्राटदाराक पांच वर्सा खातीर 114 कोटी रुपया भाड्याच्या रुपांत दितले. फाटल्या पांच वर्सांत सरकारान फुडल्या 25 वर्सांचो विचार करून वीज खात्यात गुंतवणूक केल्या.

केंद्रीय सरंक्षण मंत्रालय गोयांत डीसेंबर वा जानेवारी म्हयन्यात तीन दिसाचे know your army प्रदर्शन राज्य आयोजित करतले अशे विधान राज्य रक्षा मंत्री संजय सांगला सेठ हांणी केला. गोंयच्या तरणाट्यांनी भारतीय सेनेत तांचौ करीयर घडोवचे अशे आवाहनुय तिंणी ह्यावेळार केला. तशेंच गोयांत सैनिक स्कुल स्थापन करपाचो यत्न केला अशे संजय सेठ हांणी म्हणला. लाठी जाल्यार देशाच्या स्वातंत्र्यलढ्यात ज्या गोंयकारांनी योगदान आनी बलिदान दीला तांचे लेखी documentation आस्पाक जाय अशे मत बिहारचे आलेकार राज्यपाल राजेंद्र केरकार हांणी व्यक्त केला. तशेच नोकरक सरकारी शिरविशेक इत्सुक

आशिल्ल्या उमेदवारांनी देशाच्या लश्कर सेवेत कमीत कमी दोन वर्सा प्रशिक्षण घेवप बंधनकारक करपाक जाय अशेय मत आर्लेकार हांणी व्यक्त केला.

Prasad 95

फोंडाच्या राजीव गांधी कला मंदिरा वतीन, नाट्य तंत्र कौशल्य कार्यशाळा आयोजित केल्या. ही कार्यशाळा माचयेर प्रकाश आनी माचयेची रचना अशा दोन विभागांनी जातली.

ही कार्यशाळा २४ आनी २५ ऑगस्टाक बेर जातली तसेच ३१ ऑगस्ट आनी १ सप्टेंबराक ही कार्यशाळा जाल शेनवारा सांजवेळा ४ ते ६ मेरेन आनी आयतारा सकाळी १० ते सांजवेळा ४ मेरेन कार्यशाळा आमतली. दोनूय गटांत दरेकी 30 अर्जदारांक पयली येवपी पयली तत्वाचेर प्राधान्य दितले कार्यशाळे खातीर प्रवेश फॉर्म कला मंदिर कार्यालयांत उपलब्ध आसात. अर्ज घेवपाची निमाणी तारीख 22 ऑगस्ट मेरेन आसतली आनी चडावात म्हायती खातीर कला मंदिरा कडेन संपर्क सादचो अशें कळीत केला.

JITENDRA - NATIONAL SPACE DAY - 140

देशभरांत फाल्यां पयलो राष्ट्रीय अंतराळ दीस 2024 मनयतले. फाटल्या वर्सा ह्या दिसा चंद्रयान-3 मिशनाच्या विक्रम लँडरान चंद्राच्या पृष्ठभागाचेर सॉफ्ट लँडिंग केल्ले. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू नवी दिल्लीत भारत मंडपमात मुखेल कार्यावळीचें उक्तावण करतल्यो. अंदूच्या महोत्सवाचो विशय चंद्राक स्पर्श करतना जिणेक स्पर्श करपः भारताची अंतरिक्ष गाथा. हो विषय अवकाश संशोधनाचो समाज आणि तंत्रज्ञानाचेर जावपी सखोल प्रभावाचेर भर दिता.

काल नवी दिल्लींत पत्रकार परिशदेंत उलयतना अंतरिक्ष राज्यमंत्री डॉ जितेंद्र सिंग हांणी सांगलें, हो पयलो राष्ट्रीय अंतरिक्ष दीस फकत उत्सवाचो दीस न्हय,

तर चिंतन, आत्मनिरीक्षण आनी फुडारा खातीर नियोजनाचो दीस असे. फुडल्या धा वर्सांत अंतरिक्ष अर्थवेवस्था पांच पटींनी वाडून सुमार 44 अब्ज डॉलर जातली अशें तांणी सांगलें.

आमचो प्रतिनिधी कळीत करता कि राष्ट्रीय अंतरिक्ष दीस मनोवपा खातीर फाटल्या एका म्हयन्यांत देशभरांत हजारां वयर कार्यावळी घडोवन हाडल्यात. ह्या उत्सवाचो एक भाग म्हूण भारतीय अंतरीक्ष हॅकथॉन आनी इसरो रोबोटिक्स चॅलेंज आयोजीत केल्लें.